**160 एमएलडी साळावली उदका प्रकल्पातल्यान उदका पुरवण जावची ना**

ता. 7 डिसेंबर 2023

160 एमएलडी साळावली उदका प्रक्रिया प्रकल्पाच्या मडगांव दुफांटो तोंक ते वेर्णा टांकये मेरेनच्या पोरण्या 1200 एमएम व्यासाच्या पायपलायनीच्या गळटीचे दुरूस्ती काम करपाचे नियोजन केल्ले आसा आनी ते प्रमाण ता. 11 आनी 12 डिसेंबर 2023 दिसा वयल्या पायपलायनीचे दुरूस्ती काम करतले. त्या खातीर 160 एमएलडी साळावली उदका प्रक्रिया प्रकल्पातल्यान वयल्या दिसांनी उदका पुरवण जावची ना. पुण 100 एमएलडी नव्या साळावली उदका प्रक्रिया प्रकल्पातल्यान सदांचें भशेंन उदका पुरवण जातली. गिरायकांनी ह्या गैरसोयिची नोंद घेवची, अशें उदका पुरवण विभागान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/934

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.